Panaji Regional 26th August 2026 7.25am

DIP –

केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांच्या हस्तुकीं आज सकाळी 10.30 वराचेर पत्रादेवी हांगाच्या हुतात्मा स्मृती स्मारकाचे उक्तावण जातले. गोंय मुक्ती चळवळीतल्या हुतात्म्यांक आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक तांणी गोंय मुक्ती खातीर दिल्ल्या बलिदानाक आदरांजली म्हूण गोंय  सरकारान हे स्मारक उभारला.

गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासात पात्रदेवीच्या थळाक खास म्हत्व आसा. पात्रादेवी हांगाचे  हुतात्मा स्मारक स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचे प्रतिक आसा आनी हे  स्मारक फुडल्या पिळग्यांक  स्वातंत्र्य सैनिकांचे शौर्य आनी त्यागाचो इतिहास समजून घेवपाक एक प्रेरणा स्थान आसतले. गोंयच्या लोकांनी स्मारकाच्या उक्तावण सुवाळ्याक उपस्थित रावन हुतात्म्यांक आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक आगाँ ओपची, अशें सरकारान आवाहन केला. स्मारकाच्या उक्तावण सुवाळ्याक केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह ह्याच्या वांगडा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक; राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानवडे; आमदार प्रवीण आर्लेकर आनी  जीत आरोलकर, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कंदवेलू आनी हेर मानेस्त उपस्थित रावतले.

गणेश

कोलवाळ बंदखणीत घुंवळी वखदांच्या तस्करी तशेच हेर गैरप्रकारांची पोलीस म्हासंचालकां मार्फत चवकशी जातली. पोलीस म्हासंचालकांक बंदखणीची पळोवणी करून चवकशी अहवाल सादर करपाचे निर्देश दिल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. मंत्रिमंडळ बसके उपरान पत्रकारांकडेन उलयताना तांणी ही म्हायती दिली.  येत्या अधिवेशनात गोंय वकील संरक्षण विधेयक सरकारा मार्फत सादर जातलें. ह्या विधेयकाक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिली. म्हजो फ्लॅट येवजणे खातीर सरकारान सहकार कायद्यात दुरूस्ती करपी अध्यादेश जारी केल्या. ह्या अध्यादेशांक अनुसरून कायद्यात दुरुस्ती करपा खातीरच्या विधेयकांक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिल्या. मुखेलमंत्री सावंत हांणी ही म्हायती दिली.

Ganesh

एस्टिमेट उसरां सादर जाल्ल्यान प्रधानमंत्री ग्राम सडक येवजणे खाला रद्द जाल्ल्या 102 कोटींच्या 12 प्रकल्पांक परतून मान्यताय मेळ्ळ्या अशी म्हायती भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली. Byte

रश्मी

मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठान काल सुधारीत गोंय नगरपालिका अध्यादेश २०२६ पुरायपणान कायदेशीर आसा असो निवाडो दीला. ह्या अध्यादेशांत ११ नगरपालिकांतल्या प्रभागांचें सीमांकन आनी आरक्षण हांचो आस्पाव आसा. उच्च न्यायालयान गोंय राज्य वेंचणुक आयोगाक नगरपालिका वेंचणुकेची प्रक्रिया २ जानेवारी २०२७ मेरेन पुराय करपाचो आदेश दिला अशी म्हायती राज्य वेंचणुक आयोगाची बाजु मांडपी वकील सोमनाथ कर्पे हांणी काल सुनावणे उपरांत दीली. ह्या निर्णयाखातीर गोंयातल्या ११ नगरपालिकांच्या वेंचणुकेचो मार्ग मेकळो जाला. Byte

युपिआय

युनिफाइड पेमेंट्स इंटरफेस (UPI) वरवी जावपी डिजिटल पेमेंटाक लागुन मडगाव न्यू मार्केटातल्या ल्हन व्यापारी आणि गिरायकांक सदच्या मोडीचो उणाव पयस जाल्यान प्रचंड सोय जाल्या. या डिजिटल बदलाचेर उलयतना, मडगाव न्यू मार्केट मर्चेंट्स असोसिएशनचे अध्यक्ष गोपाल नाईक हाणी सांगले byte

Sports –

ग्रॅण्ड चेस टुराच्या अखेरच्या टप्प्यांत भारतीय ग्रॅण्डमास्टर आर प्रज्ञानंदान जर्मनीच्या व्हिन्सेंट किमराचेर 19-9 असो दणदणींत जैत मेळयत फायनलींत सुवात मेळयली. फायनलींत प्रज्ञानंदाची मॅच  सध्याचो वस्ताद अमेरिकेच्या फॅबियानो कारुआना आड जातली.

Weather -

राज्यांत 31 ऑगस्ट मेरेन  हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय वेधशाळेन उक्यताल्या. आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31-32 degrees celcius, जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 25-26 degrees celcius आसपाची शक्यताय आसा.